**राष्ट्रपती मुर्मू- 54**

समाजीक, अर्थीक, राजकी आनी सांस्कृतीक अशा पुनरुज्जीवनाच्या वेगवेगळ्या पांवड्यार देश मार्गक्रमण अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी आयज सांगलें. उत्तर प्रदेशांतल्या अयोध्या हांगाच्या श्री राम जन्मभूमि देवळांत आयज सकाळीं राष्ट्रपती सभेक संबोधीत करताल्यो. प्रभू रामाची नगरी असलेल्या अयोध्येत आमी सगळ्यांनी भारताक संवसारात व्हडलें स्थान मेळोवन दिवपाचें वचन दिवूया अशें राष्ट्रपती मुर्मू हांणी संबोधन करताना म्हटले. (Byte)

**डोनाल्ड ट्रम्प - 53**

अस्तंत आशियांत तणाव वाडत असा, मजगती कताराच्या म्हत्वाच्या उर्जा मुळाव्या साधनसुविधांचेर क्षेपणास्त्र हल्ल्या उपरांत अमेरिकेन इराणाक खर शिटकावणी दिल्या. कताराच्या सुविधांचेर इराणान फुडें कसलोय हललो केल्यार वॉशिंग्टन प्रतिसाद दितलो अशें राष्ट्राअध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी सांगलां. तशेंच परतून अशे हल्ले जाले जाल्यार इराणाचें साउथ पार्स गॅस क्षेत्र (गॅस फील्ड) उडयतले अशी शिटकावणीय तांणी दिल्या.

**वीज मंत्री मनोहर लाल- 81**

वीज म्हणल्यार फकत उर्जा न्हय, ती फुडाराचो एक नकासो असा अशें केंद्रीय वीज मंत्री मनोहर लाल हांणी आयज सांगलें. नवी दिल्लींत जाल्ल्या 'भारत वीज शिखर परिशद 2026' च्या उक्तावण अधिवेशनांत संबोधन करतना मंत्री मनोहर लाल हानी वीज परवडपाचेर भर दिलो आनी भारतांत वीज हेर जायत्या देशां परस चड परवडटा अशें सांगलें. तांणी फुडें सांगलें की, 'वन सन, वन वर्ल्ड, वन ग्रिड' नेटवर्काचो एक भाग म्हूण सरकार संयुक्त अरब अमीरात (युएई) कडेन पाणबुडी वीज प्रसारण केबल नेटवर्क चालीक लावपाची येवजण आंखपाक लागला.

**अश्विनी वैष्णव - 50**

केंद्रीय मंत्रीमंडळान 2026-27 ते 2030-31 ह्या काळांत 1500 मेगावॅट क्षमताय आशिल्ले 'ल्हान जलविद्युत प्रकल्प' (एसएचपी) स्थापन करपा खातीर 'ल्हान जलविद्युत उदरगत येवजणेक' मान्यताय दिल्या. (Byte)

**राजनाथ सिंग- 63**

फुडल्या वर्सांनी देशी ड्रोन उत्पादनाचें जागतीक केंद्र म्हूण उदेंते खातीर देशान 'मिशन मोड'चेर काम करप गरजेचें आसा अशें संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंगान आयज सांगलें. नवी दिल्लींत जाल्ल्या 'राष्ट्रीय संरक्षण उद्देग परिशदेंत' संबोधीत करतना मंत्री राजनाथ सिंग हांणी रणनिती स्वायत्तताय सुनिश्चीत करपा खातीर, संरक्षणाची तयारी वाडोवपा खातीर आनी सध्याच्या भूराजनीतीक अनिश्चिततायेंत देशाक 'आत्मनिर्भर' करपा खातीर ड्रोन उत्पादन पर्यावरण प्रणाली तयार करपाच्या तात्काळपणाचेर भर दिलो.

**हवामान- 41**

भारत हवामान खात्यान फुडले दोन दीस आसाम आनी मेघालयांत व्हड ते खूब व्हड पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. तशेंच फाल्यां हिमाचल प्रदेश, जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, उपहिमालयन अस्तंत बंगाल, सिक्किम आनी उत्तराखंडांत व्हड प्रमाणांत पावस पडपाच्या शिटकावणी सयत हवामान खात्यान 'ऑरेंज अलर्ट' जारी केल्या.

**खेळ- 58**

इशान किशन इंडियन प्रिमियर लीग 2026 च्या पयल्या कांय मॅचीं खातीर सनरायजर्स हैदराबादाचें नेतृत्व करतलो. फाटीच्या दुखापतांतल्यान अजून पॅट कमिन्स आजून बॅरो जालो ना म्हूण ताच्या जाग्यार ईशान किशन ताबॉ घेतलो. अभिषेक शर्मा ह्या काळांत किशनाचो उपकर्णधार म्हणून काम करतलो. खबरां प्रमाण ही वेवस्था फकत तात्पुरती आसा आनी नेमान कॅप्टन कमिन्स पुरायपणान सारको जातकच फुडारपण परतून सुरू करतलो.